Panaji

Regional  7:45 pm

नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी...... तुमकां प्रादेशिक खबरो दिता

ह्यो आसात काय मुखेल खबरो

1. गांधीजींची विचारसरणी प्रत्येकान अंमलात हाडुन विकसित भारत आनी स्वयंपुर्ण गोय करपाच्या नदरेतल्यान जापसालदारकीन वागपाक जाय अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

2. ..कदंबा ही गोंयच्य येरादारी मळावेली लायफ लायन आसा. अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

3. क्रिकेटात यजमान भारत आणि वेस्ट इंडिज मदल्या दोन सामन्यांच्या कसोटी मालिकेक आजपासून सुरुवात जाली.

आता पुराय खबरो

1. सत्य ,अंहिंसा, साधे राहणीमान आनी देशसेवा हाका महत्व दिवन गांधीजीन देशाच्या उदरगतीखातीर योगदान दिला. फकत राजकीय स्वांतत्र्य न्हीं तर देश जेन्ना आत्मनिर्भर जातलो तेन्ना खऱ्या अर्थान स्वांतत्रायाची गोडसाण देशातल्या जण एक नागरीकाक चाखपाक मेळटली अशे गांधीची म्हणटाले. आयज ही विचारसरणी प्रत्येकान अंमलात हाडुन विकसित भारत आनी स्वयंपुर्ण गोय करपाच्या नदरेतल्यान जापसालदारकीन वागपाक जाय अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते पोरण्या गोंयां गांधी जयंतीच्या शासकीय कार्यावळीत उलयताले. केंद्र सरकाराच्यो 80 प्रतीशे येवजण्यो गोंय सरकारान येसस्वीपणान चालीक लायला, गोंय innovation, technology, reseach, sratrt upsच्या माध्यमातल्यान मुखार सरपाक लागला अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

स्वच्छ सुंदर , स्वंयपुर्ण गोंय करपाक , पंचायत, नगरपालिका, उद्देजक, शिक्षक,, तशेंच जण एका नागरीकांन योगदान दिवन विकसित भारत घडोवपाक हातभार लावचो अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केले

गोंय हे सर्वधर्म समाभाव आनी शांतीकायने रावपी राज्य, ताका लागुन धर्मिक तेढ निर्माळ करपी मनशांक गोंयकारांनी बळी पडचे न्ही अशेय आवाहन मुखेलमंत्र्यान केला.

गांधी जयंती सयत देशाचे आदले प्रधानमंत्री लाल बहादुर शास्त्री हांका तांच्या जयंतीनिमतान मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार आर्गा ओपली.

ह्यावेळार उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक, थळावो आमदार राजेश फळदेसाय, जिल्हा पंचायत अध्यक्ष धाकु मडकयकार ,आदली मंत्री निर्मला सावंत ,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

2. सेवा आणि सुशासन, म्हणजेच सार्वजनिक सेवा आणि सुशासन या मंत्राने मार्गदर्शित, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला सरकाराच्या प्रयत्नाविशी. आज, खासा मालिका - 'सेवा पर्व', हातुत मोदी सरकार ईशान्येकडच्या राज्यांक भारताच्या विकासाचे एक नवीन इंजिन कशे करता हे विशीचो हो खासा रिपोर्ट Byte

3.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला महात्मा गांधींचें सपन साकार जाता. केंद्राच्यो 80 टक्के महत्वाकांक्षी येवजण्यांची कार्यवाय गोंयांत सुरू आसा आनी गोंय स्वयंपूर्णतेच्या दिकेन वता. नशामुक्त आनी नितळसाणेचे ध्येय साध्य करपाक पंचायत, नगरपालिका आनी तरणाट्यांनी सहकार्य करचे अशे मुखेलमंत्री, डॉ. प्रमोद सावंत हाणी गांधी जयंती आनी लाल बहादुर शास्त्रींच्या जयंती निमतान केला. तशेच दसरो वा विजयादशमीच्यो शुभेच्छा दिल्यात

4.बोरीच्या स्वामी विवेकानंद वाणिज्य महाविद्यालयाच्या मार्गदर्शन फाट्यातल्यान विद्यार्थ्यां मदीं मानसीक भलायकी आनी आत्महत्या आडावपा खातीर, मानसीक बरेपण, शिक्षणीक समायोजन आनी समग्र उदरगत हांचेर उपाय काडपा खातीर कॉलेज ऑफ कॉमर्सान पद्दतशीर उपक्रमांची माळ सुरू केल्या. मार्गदर्शन फाट्यान मानसीक भलायकेक चालना दिवपा खातीर जायत्यो जागृताय कार्यावळी घडोवन हाडल्यो. तातूंत “मार्गदर्शना विशीं गैरसमज पयस करपा खातीर क्विझ", "सहानुभूती आनी संवाद", “मंडला आर्ट थेरपी", “मूड अवेअरनेसा खातीर ओरिगामी” आनी “सकारात्मक घोशणा” सारकिले कार्यक्रम आशिल्ले. तशेंच “मादक पदार्थांचो दुरुपयोग आनी ताचे दुश्परिणाम", “सायबर निरोगीपण” आनी “जबाबदार मोबायल वापर” ह्या विशयांचेर विशयात्मक सत्रां घडोवन हाडलीं. मार्गदर्शन फाटोआनी ग्रंथालय विभागान संयुक्तपणान एक सर्त घडोवन हाडली, जातूंत विद्यार्थ्यांक समाजीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर आपले विचार उक्तावपाक एक माची मेळळी आनी तांचो आत्मविस्वास, संवाद कौशल्य आनी विचार वाडलो. मार्गदर्शन सेवांक व्हड प्रतिसाद मेळ्ळो, सुमार 150 विद्यार्थ्यांनी वैयक्तीक, कुटुंबीक आनी गट मार्गदर्शन सेवांचो लाव घेतलो. म्हाविद्यालयाचे प्राध्यापक आनी प्राचार्य अच्युत पेडनेकार हांणी मार्गदर्शन फाटयाच्या यत्नांची तोखणाय केली आनी शिक्षणीक नदरेनच सक्षम न्हय तर भावनीक नदरेन घटमूट आनी समाजीक जापसालदारकी आशिल्ली तरणाटी पिळगी घडोवपाक अशा कार्यावळींचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें सांगलें.

6.कदंबान गावगिऱ्या वाठारात येरादारीची महत्वाची सेवा दिल्या.कदंबा ही गोंयच्य येरादारी मळावेली लायफ लायन आसा. कदंबा बस सेवा फायदयाखातीर न्ही जाल्यार सेवा म्हण गोंय सरकार चलयता अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. कांय दिसांनीच कंदबा बसींचेर स्मार्ट ट्रान्सिस कार्ड सेव सुरु जातली. हे कार्ड सगळया कंदबा बसींनी वापरपाक मेळटले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. ते कदंबा म्हामंडळाच्या 45 व्या वर्धापन दिसाच्य कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयातले. कदंबा म्हामंडळात 2 हजरापरस चड कर्मचारी काम करताता. राज्यात 550 कदंबा बसी चलतात असी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या

जानेवारी 2026 मेरेन कदंब म्हामंडलाचे पुराय कामाची यंत्रणा डिजीटल जातली अशी म्हायती ह्यावेळार पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिल्या. ह्यानफुडे कदंबा बसीचे लोकेशन अपावरवी उपलब्ध जताले अशेय तांणी सागंले. कदंबा बसींची सेवा आजुनु गोंयांत

येरादारीच्या मलावेली महत्वाची सेवा जावन आसा अशे मत ह्यावेलरा मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी व्यक्त केला.

7.कृषिदेवता - भगवान श्री बलराम हांच्या जल्मदिसा निमतान भारतीय किसान संघाच्या शिरोडा ग्राम समितीन आयतारा, 5 ऑक्टोबराक सांजवेळा 4:00 ते 7:00 मेरेन तरवाळे शिरोडा हांगाच्या श्री भूमिपुरुष सभा मंडपांत "कृशी-मित्र मेळावा" घडोवन हाडला. "प्रगत आनी आधुनीक तंत्रगिन्यानाचो वापर करून शेतकी आनी बागायतीचें उत्पन्न कशें वाडोवप" ह्या विशयाचेर अथर्व एग्रोवेट एजन्सीचो धनी आनी पुरोगामी शेतकार. राजेश देसाय, जाल्यार गांव उदरगत समन्वयक - गोंय विभाग महेश शिलकार "देशी गाय पोसपाचें म्हत्व आनी फायदे" आनी शेतकी खात्याचे सहाय्यक विभागीय अधिकारी नितीन बोरकर "शेतकी खात्याच्यो वेगवेगळयो शेतकी कल्याण येवजण्यो, सवलती आनी अर्थीक मजत आनी उण्यांत उणे कागदपत्रां खातीर गरजेचे" ह्या विशयाचेर मार्गदर्शन दितले तें". ह्या मेळाव्यांत शेतकारांक अणभव आशिल्ल्या तज्ञां कडल्यान मार्गदर्शन मेळटलें. हालींच ग्राम समितीन आयोजीत केल्ल्या गाय आनी म्हशींच्या घटमूट आनी निरोगी । वासरां खातीर सर्तींत जैतिवंत जाल्ल्यांक इनामा भेटयली

8. बुद्धिबळात, तामिळनाडूच्या ग्रँडमास्टर पी. इनियन हाणे आंध्र प्रदेशातल्या गुंटूर हांगा जाल्या ६२ व्या राष्ट्रीय बुद्धिबळ अजिंक्यपद स्पर्धेत जैत मेळयले. ताणे ११ पेक्षा चड फेरीत अपराजित रावुन ७ विजय आणि ४ अनिर्णित अशे .विजेतेपद पटकायले.

9.भारतीय हवामान विभागान आज ओडिशात काय सुवातानी पावसाचो रेड अलर्ट जारी केला . येत्या दोन दिसांत आसाम, मेघालय, छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश आणि पश्चिम बंगालच्या काय भागातय अशीच परिस्थिती उरु येता

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट मुखेल खबरो

1. गांधीजींची विचारसरणी प्रत्येकान अंमलात हाडुन विकसित भारत आनी स्वयंपुर्ण गोंय करपाच्या नदरेतल्यान जापसालदारकीन वागपाक जाय अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

2. ..कदंबा ही गोंयच्य येरादारी मळावेली लायफ लायन आसा. अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

3. क्रिकेटात यजमान भारत आणि वेस्ट इंडिज मदल्या दोन सामन्यांच्या कसोटी मालिकेक आजपासून सुरुवात जाली.

आनी इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यों मुखावेल्यो प्रादेशिक खबरो फाल्या सकाळच्या 7. 25 मिनटांचेर. नमस्कार